# गोंयात ग्रीन कोरिडोर विकासाखातीर करार

ता. 13 ऑक्टोबर 2017
21 आश्विन 1939

गोयातल्यान वचपी राष्ट्रीय महामार्गाचेर ग्रीन कोरिडोर विकासाखातीर आयज केंद्रीय रस्तो, महामार्ग आनी शिपींग मंत्री श्री. नितीन गडकरी आनी मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांचे उपस्थीत समजोतो कराराचेर साक्षरी जाली.

गोंय साधन सुविधा विकास महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. श्रीनेत कोठवाळे आनी केंद्रीय रस्तो येरादारी मंत्रालयाचे श्री. सिंग हांणी कराराचेर साक्षरी केली.

शंभर कोटी खर्चाच्या राष्ट्रीय महामार्गावयल्या ग्रीन कोरिडोर विकास प्रकल्पाखातीर केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी महामार्ग मंत्रालय निधी दितले आनी जीएसआयडीसी वतीन प्रकल्पाचे काम पूर्ण करतले. गोंयच्या महामार्गा कुशीक फळां आनी फुलझाडां रोवन सोबीतकाय वाडोवपाचे प्रयत्न आसा.

ह्या वेळार भौशीक बांदकाममंत्री श्री. रामकृष्ण ढवळीकर, गोंय साधन सुविधा विकास महामंडळाचे अध्यक्ष श्री. दिपक पाऊसकर, उपाध्यक्ष श्री. सिध्दार्थ कुंकळ्येकर आनी राज्य व केंद्र सरकारचे अधिकारी हजर आशिल्ले.